Panaji regional 20.6.2026 7.25 am

Rashmi Narse
गोंय आयुर्वेद आनी योग निरोगीपण धोरण 2026 गुंतवणूक आकर्शीत करून, नोकऱ्यांच्यो संदी निर्माण करून, आनी जागतीक निरोगीपण गंतव्य म्हूण गोंयची सुवात घटमूट करून राज्यांतल्या wellness पर्यटनाक चालना दितले अशें मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. तशेंच आयुर्वेद आनी समग्र भलायकी सेवा भौशीक भलायकी वेवस्थेंत एकठांय करपाच्या राज्य सरकारान केल्ल्या यत्नांचेर तांणी भर दिलो.

Ganesh Jawadekar
भारतीय जनता पक्षाच्या राज्य कार्यकारिणीची बसका फाल्या पणजेत जाता. केंद्रीय म्हायती प्रसारण राज्यमंत्री एल. मुरूगन हे बसकेक मार्गदर्शन करतलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, मंत्री, आमदार हांचे सयत राज्य कार्यकारिणीचे वांगडी बसकेक हाजीर आसतलें.  राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण नितीन नबीन हांणी ताबो घेतले उपरान ही पयलीच राज्य कार्य/कारिणीची बसका जाता.. आगामी वेंचणुकेविशी बसकेत चर्चा जातलीच. हे भायर हेर बरेच विशय आसा. केंद्रातल्या भाजप सरकाराक 12 वर्सां पुराय जाल्या. ह्या 12 वर्सांत केंद्र सरकारान लागू केल्ल्यो येवजण्यो तशेच हेर कामांची म्हायती लोकांमेरेन पावोपाची गरज आसा, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी दिली.

Rashmi Narse
राज्यातल्या सगळ्या धरणानी म्हयनोभर पुराय जातले इतले उदक उपलब्ध आसा. सध्या तरी उदकाच्या वापराचेर कसलेच निर्बंद येवचे ना. उदका खातीर भियेपाची गरज ना. दोन, तीन दिसा उपरान पावस आयलो जाल्यार स्थितीत आनीक सुदारणा जातलीं. पंदरा दिसा उपरान, उदका पुरवण आनी पेयजल खातें उदकाच्या स्थितीचो नियाळ घेतलें, अशें उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें. सध्या दिसाक गरज आसा तितले 677 एमएलडी उदक उपलब्ध आसा, अशें पेयजल खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें.

DIP
21 जून 2026 दिसा राज्यांत सगळीं कडेन 12 वो आंतरराष्ट्रीय योगा दीस मनोवपात येतलो. हे फाटभूयएर,  सर्वसादारण प्रशासन खात्यान सगळीं सरकारी कार्यालयां, स्वायत्त संस्थां आनी म्हामंडळांच्या मुखेल्यांक एक परिपत्रक जारी करून आपले अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांनी तांच्या लागीच्या थळार आयोजीत आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रमात मोठ्या संख्येन सहभागी जावपाचो आदेश काडला.

तशेच, कर्मचाऱ्यांनी क्युआर कोड स्कॅन करून आंतरराष्ट्रीय योगा दीस कार्यक्रमातल्या आपल्या सहभागाचे प्रमाणपत्र तयार करून आपल्या कार्यालयाक धाडचे.

Subhash Jaan

टपाल निवृत्तीवेतना कडेन संबंदीत आशिल्ल्या कागाळीचे वेळार आनी प्रभावीपणान निवारण करचे खातीर भारतीय टपाल विभागाच्या गोवा विभागान २० जुलै दिसा दनपारच्या ३ वरांचेर पणजी पोस्टमास्टर जनरल कार्यालयांत 'टपाल निवृत्तीवेतन अदालत आयोजीत केल्या. ही अदालत गोवा आनी महाराष्ट्रांतल्या सांगली, कोल्हापूर, रत्नागिरी आनी सिंधुदुर्ग या जिल्ह्यांतल्या टपाल विभागाच्या सेवानिवृत्त वा मरण आयील्ल्या कर्मचाऱ्यांच्या निवृत्तीवेतन आनी हेर निवृत्तीवेतन लाभांच्या अशा प्रकरणांचेर विचार करतली, जीं ३ म्हयन्यांपेक्षा चड काळा सावन पडून आसात. पात्र निवृत्तीवेतनधारकांनी आपलो अर्ज थाराविक नमुन्यांत पोस्टमास्टर जनरल कार्यालय, गोवा विभाग, पणजी - ४०३००१. ह्या पत्त्याचेर वा ई-मेलाचेर धाडून करचो

Subhash Jaan

आयतार २१ जून २०२६ दिसा जावपी 'री-नीट' परीक्षे खातीर गोंय सरकार पुराय तरेन सज्ज जालां. दक्षिण गोंयचे जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी परीक्षेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो आनी प्रशासनान केल्ल्या व्यवस्थापना विशीं पत्रकारांक म्हायती दिली. कदंब येरादारी म्हामंडळान 21 जून दिसा नीट परीक्षा दिवपी विद्यार्थ्यां खातीर कदंब बस सेवेची वेवस्था केल्या. पणजी ते कुजीरा-बांबोळी स्कुल कॉम्पलेक्स, पणजी ते केंद्रीय विद्यालय, बांबोळी, पणजी ते आयएनएस मांडवी, बेती वेर, म्हापशें ते सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी, म्हापशे, म्हापशे ते संत सोयरोबानाथ आंबीये सरकारी म्हाविद्यालय पेडणे, साखळी ते सरकारी म्हाविद्यालय, साखळी, मडगांव ते एनआयटी कुंकळ्ळी, फोंडा ते केंद्रीय विद्यालय, फोंडा, वास्को ते केंद्रीय विद्यालय-1 दाबोळी आनी केंद्रीय विद्यालय-2 दाबोळी वास्को अशी बस वेवस्था आसतली.

IMD

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, काल, राज्यात चडान चड तापमान 34 डिग्री celcius आनी उण्यात उणे तापमान 27 डिग्री celcius नोंद झाला.